**अन्न आनी वखदां प्रशासन संचालनालया वतीन वॉकाथॉन चे आयोजन**

ता. 14 नोव्हेंबर 2023

अन्न आनी वखदां प्रशासन संचालनालयान वेर्णा उद्देगीक संघटनेच्या सहकार्यान फाल्या ता. 15 नोव्हेंबर 2023 दिसा "निरोगी जीणेखातीर भरड धान्य" ह्या संकल्पनेचेर वॉकाथॉनचे आयोजन केला. वेर्णा आयडीसी कचेरी कडल्यान वॉकाथॉनाक सुरवात जातली.

संयुक्त राष्ट्र संघान 2023-24 हे वर्स आंतरराष्ट्रीय मिलेट्स वर्स म्हूण जाहिर केला. हे फांटभूंयेर भारत सरकारान भरड धान्याक प्रोत्साहन दिवपा खातीर विंगड विंगड विभागांमार्फत साबार कार्यक्रमांचे आयोजन केला. भरड धान्य हे पुश्टीक आहार आसा आनी भरड धान्याक प्रोत्साहन दिवपा खातीर अन्न आनी वखदां प्रशासन संचालनालया वतीन साबार कार्यक्रमाचे आयोजन करपात येता.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/869

--

-----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.